Konkani X 2017-2018

कक्षाः धावी विशयः कोकणी

सुचोवण्यो: १) दरेका प्रस्नाची जाप नव्या पानार सुरू करची.

२) प्रस्न आनी उप- प्रस्नाचे आंकडे स्पश्ट बरोवचे.

३) सगळे प्रस्न सक्तीचे आसात.

४) उजवे वटेन बरयिल्ले आंकडे प्रस्नाचे वट्ट गूण धरचे.

प्र१क)सकयल दिल्ल्या पर्यायांतल्यान फावो तो पर्याय विधानामुखार बरोवन वाक्या पुराय करात:- (३)

अ) तरणाटो सायमन काब्राल आपल्या गांव घरा परतलो तेन्ना-----------------------

१. सायमन वाटायल्ल्या भुरग्यांक खोशी जाली.

२. सायमनाच्या वरिश्ट पाद्रीक खोशी जाली.

३. सयमनाचे मांयक खोशी जाली.

आ) एक समाज कार्य केल्याची खोशी म्हूण हांवय ------------------------

१. शेजाऱ्याक वखद हाडून दिता

२. कांय दोतोरांक सोडून काडपाचो वावर करता

३. दोतोरांक मेळून वासपूस करता

इ) आयज सोनिया शाळेंत आयलें तेन्ना --------------------

१. देशाची कोट्यानीं रूपयांची जातली नाशाडी थांबली.
२. दोंगराचें एक पेसण पडटा तें ताणें पळयलें.
३. मुखेल शिक्षकान ताच्या गळ्यांत हार घालो.

ख) सकयल दिल्लीं विधाना कंवसांत दिल्ल्या पाठांतल्या बरोवप्यांचीं आसात. तीं वळखून त्या पाठांच्या बरोवप्याचीं नांवां बरयात. (२)

(हेमा नायक, एन शिवदास, शणै गोंयबाब, मधूसूदन वोरकार)

अ) पोरांच्या वसाचें दुख्ख अजून हांव सारकें विसरंकूच ना.

आ) सूख-शांती म्हणटात तीं वख्दाक म्हारग जाल्या.

ग) सकयल दिल्लीं विधानां कोणें कोणाक म्हणल्यांत तें बरयात: (३)

अ) 'म्हज्या पुता, तूं पार्दी न्हू. तूं जावन आसा जेजू'

१. सामनाचे आवयन सायमनाक म्हणलें

२. सायमनाच्या पायन सायमनाक म्हणलां

३. भुरग्याचे आवयन सायमनाक म्हणलें.

आ)'मगीर कॅसेट कोणें बंद केली'

१. रजनान आपले मम्मीक म्हणलां.

२. हॅलनान रजनाक म्हाणलां.

३. रमनाथान हॅलनाक म्हणलां.

इ) 'सायबा म्हज्या ! वाट चुकलो तूं !'.

१. गोरवां राखण्यान जाणटेल्याक म्हणलें.

२. जाणटेल्यान गोरवां राखण्याक म्हणलें.

३. तरणाट्यान जाणटेल्याक म्हणलें.

घ)रित्यो सुवाती कंवसांत दिल्ल्या फावो त्या उतरांनी भरून वळी परत बरयात. (४)

१) -------------------- हीं हॉलंडाची राजधानी.

(पॅरीस, जर्मन, ॲमस्टरडॅम)

२) रोंपे वाडत वताले आनी ---------- फुटटाल्यो.

( सांगो, मूग, पियांव)

३) गांवच्या तरणाट्यांनी ------------- लायटी घाल्ल्यो.

(देवळाक, इगर्जेक, घराक)

४) गाडी आयली तसो सोनियान आपल्या हातांतलो ------------- दुपटो दाखयलो.

(तांबडो, धवो, काळो)

आ) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय चार प्रस्नाची जाप आठ-धा उतरांनी बरयात: (८)

१. सायमनाक म्हानपणासावन कसली संवय आसली?

२. वादळ वारें येता तेन्ना कसली जतनाय घेवपाक जाय?

३. केशवान सपनांत किदें पळयलें?

४. भुरगे हाता भायर केन्ना वतात?

५. हॉलंड कसल्या वाहनांचो देश?

६. कल्पना ही कसली देख?

प्र२क) सकयल दिल्ल्या कवितेच्या वळींतल्यो रित्यो सुवाती कंवसांत दिल्ल्या फावो त्या उतरांनी भरून वळी परत बरयात. (४)

१. आमोरेचेर ----------------- मोगरेक फुलता कळो.

(भाटांतल्या, आंगणांतल्या, पोरसांतल्या)

२. मनशांची ती ------------ कसली चार खिणांचें फकत नांव.

(वीण, जीण, पिळगी)

३. हे व्हांवत्या न्हंयानो तुमी तुमचेच वरी म्हज्या समेस्त पेल्याक खळखळ --------------

(उदक, नितळसाण, निवळसाण)

४. तरी आयज ----------- उबो पांय रोवन मातयेंत.

( झेतान, रोबान, नेटान)

ख) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय चार प्रस्नाची जाप आठ-धा उतरांनी बरयात: (८)

१. वड आमकां कशे तरेन आलाशिरो दितालो?

२. तारयाची मठी खंय आसा?

३. झाडांकडेन कसले गूण आसात?

४. कसले वाग नाग मुखार मेळटाले अशें कवयित्री म्हणटा?

५. मांयचो शिराप घेतल्यार कितें जांव येता?

प्र३.क) सकयल दिल्ल्या वाकयांनी आडी मारिल्ल्या उतरांच्या जागयार कंसांत दिल्ल्या वाकप्रचाराचोवापर करून विधानां परतून बरयात: (४)

(आळाबंदा हाडप, बेजार येवप, जीव वली जाली, जाणविकाय नासली, प्रभाव पडप, दीस धारेक वचप)

अ) शे! शामको वाज आयलो.

आ) भुरगेपणा वयल्या गजालींचो म्हज्या सदांच्या जिविताचेर परिणाम जालो.

इ) येदो व्हडलो जालो तरी ताका समज नासली.

ई) नुस्तयाचें येवजना फुडें ताका रूच आयली.

ख) सकयल दिल्ल्या **खंयच्या दोन उतरांचीं** उरफाटया अर्थाची उतरां बरयातः (२)

१. रात  २. दुख  ३. मोग  ४. फायदो

ग) सकयल दिल्ल्या **खंयच्या दोन** उतरांची **विशेशणां** करून बरयातः (२)

१. धिटाय  २. दुबाव  ३. देव  ४. सोबीत

घ) सकयल दिल्ल्या **खंयच्या दोन** उतरांची **भावनामां** करून बरयातः (२)

२. वायट  २. जड  ३. गोड  ४. थंड

प्र४क) सकयल दिल्ल्यां **खंयच्या दोन** वाकयांत कंवसांत दिल्लें सुचवणे प्रमाण बदल करून बरयात. (२)

१) भुरो आंगणांत खेळटा. **(वचन बदलून बरयात.)**

२) जाणटोलो अपघाताची गजाल आयकून भियेलो. **(लिंग बदलून बरयात).**

३) नासलें शकय रावन युरोपांत झगडप. **(उतरांची योग्य मांडणी करून वाकय परतून बरयात)**

४) आमकां थंय म्हारग लागतालें. **(न्हयकारी करात)**

ख) सकयल दिल्लीं **खंयचींय चार अव्ययां** वापरून दरेकी एक- एक वाकय घडयात. (४)

अ) सवकास  आ) तेन्ना  इ) आरे!  ई) खातीर  उ) देखून

प्र५क) <u>सकयल दिल्लो संवाद तुमच्या उतरांनी पुराय करात आनी परत बरयात.</u> (६)

आवयः रूपेश मातसो बाजारांत वचून भाजी हाडटा रे?.

रूपेशः --------------------------------

आवयः आरे, तूं अभ्यास सोंपोवन वता म्हळयार म्हाका रांदपाक उशीर जातलो.

रूपेश: ---------------------------------

आवय: आयज मामा जेवपाक येतलो रे.

रूपेश: ----------------------------------

प्र६क) <u>सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचे सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो बरयात.</u> (६)

जेवतना- खातनाच न्हय तर अभ्यास करताना लेगीत टी.वी मुखार बशिल्लीं आतांचीं भुरगीं पळयतगीच म्हजें मन निर्शेता. टी.वी वयले कार्यक्रम पळोवचे पूण तांकांय एक मर्यादा आसची असो हांव मनांत विचार करतां. अभ्यासा भायर दर दिसा दिसाळीं वाचचीं. विंगड विंगड विशयांवेलीं पुस्तकां वाचचीं. ह्या वाचनान गिन्यानांत भर पडटा. आपले नकळत विचारसर्णेंत बदल घडटा. ते खातीर बरीं पुस्तकां वाचप गर्जेचें. पुस्तकां सारखो खरो आनी बरो इश्ट ना.

<u>रित्यो सुवाती बरात:</u>

अ) पुस्तकां सारखो खरो आनी --------- इश्ट ना

आ) अभ्यासा भायर दर दिसा --------- वाचचीं.

प्रश्न)

इ) बरोवप्याचे मन केन्ना निर्शेता?

ई) बरोवपी कित्याक मार्यादा आसची अशें म्हणटा?


उ) पुस्तकां विशी बरोवपी कितें सांगता?

ऊ) आमच्या गिन्यानांत भर केन्ना पडटा?


ख) सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचो कोंकणीत अनुकार करून बरयात. (२)

**A many of my neighbours are my friends. They are kind and of a helping nature.**


ग) सकयल दिल्ल्या चित्राच्या आदारान योग्य **माथाळो** दिवन ५०-६०उतरांनी काणी बरयात. (६)



एक गांव आसलो. त्या गांवांत मीना नावांची--------------------- ताका भोवपाची खूब आवड आसली. ताका लागून ते येता वयता त्या ----------------.



एक दिस विंचार करिनासतना ----------------------. अचकच बस सुटली आनी --------
----------------------------.



मीना रडपाक लागले आनी तें आपल्या घरा कडसून -------------देख.

प्र७क) तूं अनीश/ अनिशा सामंत, रावता आकें- मडगांव, गोंय ह्या नाम्यार सावन आयच्या काळांत शिक्षण कितलें म्हतवाचें तें पटोवन दिवपी चीट तुच्या इश्तक/ इश्टीणीक बरयात. (७)

वा

तूं रॉय/ रिना डिसोजा, रावता पैंगीण- काणकोण, गोंय ह्या नाम्यार सावन तुमच्या वाठारांत रस्ताद गोरवांक लागून घडपी अपघातांचेर बेगोबेग उपाय घेवचो म्हूण मागणें करपी चीट पंचायतीक बरयात.

ख) सकयल दिल्ल्या खंयच्या एका विशयाचेर निबंद बरयात. (५)

अ) सुकिल्ल्या झाडाची आपजीण

आ) म्हजो हावेस

इ) आमचें गोंय

ई) गोंयच्यो परबो

---

Konkani X 2017-2018

उत्तर पत्रिका- कोंकणी

प्र१क)पुराय विधान बरयल्यार १ गूण दिवचो. फक्त पर्याय बरयल्यार अर्दो गुण दिवचो. वट्ट गूण (३)

अ) ३ आ) २ इ) ३

ख) बरोवप्याचे नांव अचूक बरयल्यार देरेक जापेक १ गूण दिवचो. वट्ट गूण (२)

अ) शणै गोंयबाब

आ) मधुसूदन बोरकार

ग) कोणे म्हणलें ½ गूण कोणाक म्हणलें ½ गूण वट्ट गूण (३)

अ) भुरग्याचे आवयन सायमनाक म्हणलें.

आ) हॅलनान रजनाक म्हाणलां.

इ) गोरवां राखण्यान जाणटेल्याक म्हणलें.

घ) पुराय विधान बरयल्यार १ गूण दिवचो. फकत जाप बरयल्यार अर्दो गुण दिवचो. वट्ट गूण (४)

१) ॲमस्टरडॅम् हीं हॉलंडाची राजधानी.

२) रोंपे वाडत वताले आनी सांगो फुटटाल्यो.

३) गांवच्या तरणाटयांनी इगर्जेक लायटी घाल्ल्यो.

४) गाडी आयली तसो सोनियान आपल्या हातांतलो तांबडो दुपटो दाखयलो.

आ) जाप अजूक आसल्यार देरेक जापेक २ गूण वट्ट गूण ८ खंयचेय चार अपेक्षीत

१. सायमनाक ल्हानपणासावन आपल्या- पयल्याक वेळाकाळार आदाराक पावपाची सवय आसली.

२. वादाळसंबंदान अदमास करून लोकांक सुरक्षीत जाग्यार वचूंक सांगूक जाता.

३. केशवान सपनांत एक धुसर, अस्पश्ट आकताय आपणाकडेन पयशे मागता अशें पळयलें

४. अर्दकुटें शिक्षण जाता आनी बरे संस्कार जायनात तेन्ना भुरगे हाता भायर वतात.

५. हॉलंड सायकलींचो देश.

६. एका गांवगिऱ्या वाठारांतली चली मनांत आयल्यार किते करूंक शकता हाची कल्पना ही जिती जागती देख.

प्र२क) फाव तेंच उत्तर घालून पुराय वाक्य बरयल्यार पुराय गूण दिवचे नाजाल्यार अर्दो गुण देरेक जापेक १ गूण वट्ट गूण ४

१. आंगणांतल्या

२. जीण

३. नितळसाण

४. नेटान

ख) जाप अचूक आनी पुराय वाकयांत बरयल्यार पुराय गुण दिवचे वट्ट गुण ८

१. वड आमकां शितळ सावळी दिवन आमकां आलाशिरो दिता.

२. तारयाची मठी आयले तडीर आसा.

३. बुसऱ्याचेर भुकेची परवा करपाचो गूण झाडांकडेन आसा.

४. आडमेळ्याचे वाग नाग मुखार मेळटाले अशें कवयित्री म्हणटा.

५. मांयचो शिराप घेतल्यार जिवीत कोडू जांव येता आनी मनीस पिसो जांव येता.

प्र३.क) दरेक जापेक १ गूण वट्ट गूण ४

अ) शी शामको बेजार आयलो.

आ) भुरगेपणा वयल्या गजालींचो म्हज्या सदाच्या जिविताचेर प्रभाव पडला.

इ) येदो व्हडलो जालो तरी ताका जाणविकाय नासली.

ई) नुस्तयाचें येवजना फुडें ताका रूच आयली.

ख) उरफाटया अर्थाचें उतर बरोबर आसत जाल्यार एक गूण दिवचो वट्ट २गूण

१. दीस २ सुख ३. राग ४. लुकसाण

ग) अचूक जाप बरयल्यार एक गूण दिवचो वट्ट गूण २

१. धिट २. दुबावी ३. दैवी ४. सोब

घ) अचूक भावनामा बरयल्यार एक गूण दिवचो वट्ट गूण २

२. वायटपण २. जडसाण ३. गोडसाण ४. थंडसाण

प्र४क) कंवसांत दिल्लें सुचवणे प्रमाण अचूक जाप बरयल्यार एक गूण दिवचो वट्ट गूण २

१) भुरगीं आंगणांत खेळटात.

२) जाणटेली अपघाताची गजाल आयकून भियेली.

३) युरोपांत रावन झगडप शकय नासलें.

४) आमकां थंय सवाय लागनाशिल्लें.

ख) अव्ययांचो योग्य तरेन वापर करून बरयल्यार एक गूण दिवचो वट्ट गूण ४

प्र५क) भाशा शैली, भाशा शुधी, विचार चिन्हां हाचो विचार करून योग्य संवाद बरयल्यार पुराय गूण दिवचे वट्ट गूण ६

प्र६क) योग्य जाप बरयल्यार १ गूण दिवचो वट्ट गूण ६

अ) बरो

आ) दिसाळीं

प्रश्न)

इ)जेवताना- खातनाच न्हय तर अभ्यास करताना लेगीत टी.वी मुखार बशिल्लीं आतांचीं भुर्गीं पळयतगीच म्हज्रे मन निर्शेता.

ई) टी.वी वयले कार्यक्रम पळोवचे पूण तांकांय एक मर्यादा आसची असो हांव मनांत विचार करतां.

उ) पुस्तकां सारखो खरो आनी बरो इश्ट ना.

ऊ) अभ्यासा भायर दर दिसा दिसाळीं वाचचीं. विंगड विंगड विशयांवेलीं पुस्तकां वाचचीं. वाचनान गिन्यानांत भर पडटा. आपले नकळत विचारसणेंत बदल घडटा.

ख) बरोबर अणकार बरयल्यार २ गूण दिवचे

चडशे शेजारी म्हज्ये इश्ट. दुसऱ्यांक गरज तेन्ना पावपाचो आनी मेळून भरसून वागपाचो तांचो सभाव.

ग)भाशा शैली, भाशा शुध्दी, विचार चिन्हां, हाचो विचार करून काणी बरयल्यार बरे गूण दिवचे वट्ट गूण ६

प्र७क) पत्र बरोवप्याचे नांव, पत्तो, तारीख, मुद्दो अशे नेम पाळून पत्र बरयल्ले आसत तर गूण दिवचें. खंयचोय एक अपेक्षीत. वट्ट गूण ७

ख) विशय, मुद्दे, भाशा शेली, शुध्दी, भाशेची तत्वा हांचेर भर दिल्लो आसात जाल्यार बरे गूण दिवचे वट्ट गूण ५

---